13.11.2026 सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र

प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सकाळीं राष्ट्रपती भवनांत जावपी सुवाळ्यांत 'राष्ट्रीय खेळां पुरस्कार 2025' भेटयतल्यो.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन दोन दिसांच्या कर्नाटक आनी गुजरात दौ-यार आसतले. बेंगळुरूंत 15 हजार 600 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पंची बुन्याद घालतले, उक्तावण करतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बेंगळुरू-मंगळुरू-मडगांव वंदे भारत एक्सप्रेसाक बावटो दाखयतले.
- क्षयरोगा आड झुजपाक भारतान म्हत्वाचो पांवडो ह्पला. 2015 वर्सा सावन क्षयरोगाक लागून येवपी मरणांत 38% उणाव नोंद जाला.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सकाळीं राष्ट्रपती भवनांत जावपी सुवाळ्यांत 'राष्ट्रीय खेळां पुरस्कार 2025' भेटयतल्यो. खेळां मळार केल्ल्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर बॅडमिंटनांत भारतांतल्या बायलांच्या दोट्टी जोडयेक- ट्रीसा जॉली आनी पुल्लेला गायत्री गोपीचंद- तशेच वेगवेगळ्या खेळातल्या हेर 15 खेळगड्यांक 'अर्जुन पुरस्कार' भेटोवन भोवमान जातलो. भारतीय फुटबॉल खेळगडो इसायाह अरुमैनायगमाक 'अर्जुन पुरस्कार भेटयतले. एथलेटिक्स प्रशिक्षक परवीर सिंग, मुष्टीयुद्ध प्रशिक्षक छोटेलाल यादव, आनी नेमबाजी प्रशिक्षक नेहा नंदकुमार चव्हाण हांकां 'द्रोणाचार्य पुरस्कार' दिवन भोवमान करतले. पुण्यांतल्या 'आर्मी पॅरालिंपिक नोडा'क 'राष्ट्रीय खेळ प्रोत्साहन पुरस्कार' मेळटलो. खेळां क्षेत्राच्या प्रसार आनी उदरगतींत म्हत्वाचें योगदान दिल्ल्या कॉर्पोरेट संस्थांक वा स्वयंसेवी संघटनांक हो पुरस्कार दितात. खेळां मळार उत्कृश्टतायेक मान्यताय दिवपा खातीर आनी इनामां दिवपा खातीर 'राष्ट्रीय खेळां पुरस्कार' वर्सुकी दितात अशें केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान सांगलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन दोन दिसांच्या कर्नाटक आनी गुजरात दौ-यार आसतले. स्वामी विवेकानंद योग अनुसंधान संस्थान (एस-व्यासा) च्या राबित्या मुख्यालयाच्या परिसरांतल्या प्रशांती कुतीरामाच्या भांगरा महोत्सवांत ते आयज सकाळीं वाटेकर जातले .दनपारां प्रधानमंत्री Tavarekere सावन आयआयएम बेंगळुरू मेट्रो स्टेशन मेरेन मेट्रो प्रवास करतले. हाचे उपरांत प्रधानमंत्री बेंगळुरूंत 15 हजार 600 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पंची बुन्याद घालतले, उक्तावण करतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले. प्रधानमंत्री म्हैसुराकय वतले जंय, भारत वन हांगा झाडां रोवपाच्या कार्यावळींत ते वाटेकर जातले . सांजे ते COSMOS-Mysuru Planetarium चे उक्तावण करतले . फाल्यां प्रधानमंत्री गुजरातांतल्या Banaskantha च्या अंबाजी देवळांत दर्शन घेवन पूजा करतले. 51 पूज्य शक्तिपीठांतलें अंबाजी देवूळ हें एक शक्तीपीठ आसा. विकसित भारताचे ध्येय साध्य करपाक शेतकी उदरगत, शेती आनी शेतकार सशक्तीकरण हें मुखेल खांबे आसात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत भारत शेतकी परिशदेक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , शेती ही भारताची संस्कृताय आनी परंपरा आसा अशे वर्णन केले.

फकत 12 ते 13 वर्सांत 50 कोटी भारतीयांक  गरिबींतल्यान सुटका मेळ्ळी आनी ल्हान शेतकार आनी शेतकी मजुरां मदीं गांवगिऱ्या गरिबींत व्हड प्रमाणांत उणाव आयला आनी उपरांतच्या पयल्या दशका खातीर भारतांतल्या शेतकी क्षेत्रांत सरासरी 4 टक्क्यां परस चड वाड जाला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी उक्तायलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बेंगळुरू-मंगळुरू-मडगांव वंदे भारत एक्सप्रेसाक बावटो दाखयतले. ह्या नव्या  सेवेक लागून प्रवाशांक ह्या म्हत्वाच्या दर्यादेगेवेल्या आनी अस्तंत घाटांच्या मार्गांतल्यान वेगान, सोयीस्कर प्रवास करपाक  मेळटलो. आयज ह्या निमतान सर एम.विश्वेश्वरैया टर्मिनल, बेंगळुरू आनी मडगांव हांचे मदीं खाशेली वंदे भारत एक्सप्रेस चलतली, जाल्यार मंगळूरू जंक्शनांतल्यान एसएमव्हीटी बेंगळुरू खातीर आनीक एक खाशेली गाडीसुटतली.

क्षयरोगा आड झुजपाक भारतान म्हत्वाचो पांवडो हुपला. 2015 वर्सा सावन क्षयरोगाक लागून येवपी मरणांत 38% उणाव नोंद जाला. हो उणाव संवसारीक 35% उणावा परस चड आसा, जो भारतान हो रोग नष्ट करपाखातीर घेतिल्ले यत्न दाखयता. भारतांत क्षयरोगाक लागून येवपी मरणांच्या आकड्यांत उणाव देशान केल्ल्या प्रभावी कामगिरीचेर भर दिता. संवसारीक भलायकी संघटनेन जाहीर केल्ल्या 'ग्लोबल ट्यूबरकुलोसिस रिपोर्ट २०२६ प्रमाण-भारतांन क्षयरोग दुयेंतींच्या उपचारांत ९४% यश मेळयला.

शेतकी उदरगत, प्रगत शेती पद्दत, शेतकारांचें सशक्तीकरण हे 'विकसित भारत' उबारपाच्या प्रवासांत म्हत्वाचे घटक आसात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत 'भारत कृशी सम्मेलनांत उलयतना प्रधानमंत्र्यानी भारताची संस्कृताय आनी परंपरेंत शेती खोलायेन रुजल्या अशें टिप्पणी केली.

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणामाक भेट दिवन सीआयआय भागीदारी शिखर परिशदेच्या 31व्या आवृतीच्या निरोप अधिवेशनांत उलोवप करतले. काल सुरू जाल्ली ही दोन दिसांची शिखर परिशद "Navigating the New World Order: Trade, Technology, Trust and Thought Leadership" ह्या विशयांतल्यान जाता. केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालय, आंध्र प्रदेश सरकार आनी सीआयआय हांणी जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या ह्या परिशदेंवरवी जायत्या देशांतले धोरण निर्माते, मंत्री, वेवसायीक फुडारी आनी राजनयिक एकठांय हाडल्यात.

भारतान विकसीत देश करपा खातीर 2047 मेरेन मुजत थारायल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. दिल्लींतल्या भाजपाच्या मुखेल कार्यालयांत दिवाळी मिलन कार्यावळीक संबोधीत करतना ते उलयताले. राष्ट्रान स्वातंत्र्याची शंबर वर्सां पुराय करचे पयलीं भारताक विकसीत राष्ट्र करपा खातीर सगळ्यांनी एकठांय येवन वावर करचो पडटलो अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हळें.  चंद्राच्या दक्षिण ध्रुवालागसार देंवून भारतान इतिहास घडयला अशें हालींच्या वर्सांच्या कामगिरी विशीं उलयतनां  प्रधानमंत्री मोदी हांणी नमूद केलें. भारत, संवसारातलो दुसरो सगळ्यांत व्हड मोबायल फोन उत्पादक देश जाला. आनी फकत  १२ वर्सांनीं देशान आपली सौर ऊर्जा निर्मिती क्षमता ५० पटीं वयर अदिक वाडयल्या. फुडें उलयतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

भारताचो 57व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव म्हळ्यार इफ्फी 2026 ची तय्यारी गोंयांत सुरू आसा आनी आयज सकाळीं पुर्वतयारी पत्रकार परिशद जावपाची आसा. णव दिसांचो हो महोत्सव 20 ते 28 नोव्हेंबर मेरेन गोंयांत जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत ह्या कार्यावळीत  हाजीर रावपाचे आसात. गोंयच्या दोना पौलात सकाळीं 9:30 वरांचेर हि  पत्रकार परिशद जातली. तशेंच म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाचे सचीव चंचल कुमार, आनी इफ्फी महोत्सवाचे संचालक आशुतोष गोवारीकर हे कार्यावळीक हाजीर आसतले.

भारताच्या उत्पादन, गुंतवणूक, निर्यात आनी रोजगारांत म्हत्वाची वाड उजवाडाक हाडून भारतीय वेवस्थापन संस्था, अहमदाबाद हांच्या सहकार्यान ज्ञान भागीदार म्हूण तयार केल्लो पीएलआय येवजण्यांचो परिणाम मूल्यमापन अहवाल निती आयोगान जाहीर केला. अहवाला प्रमाण 14 क्षेत्रांतल्या पीएलआय येवजण्यांनी दोन लाख 40 हजार कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक आकर्शीत केल्या.

नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमांत आयज 45व्या भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळावो (आयआयटीएफ) 2026 चें उक्तावण जातलें.

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख आनी मुजफ्फराबाद हांचेर वीज आनी वादळां वांगडा गडगडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. ह्याच काळांत अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेरय अश्याच हवामानाची स्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. दिल्ली-एनसीआरांतल्या हवेचो दर्जो सामकोच वाय्ट वर्गांत आसा. केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या म्हणण्या प्रमाण आयज सकाळीं 7 वरांचेर दिल्लीचो हवेचो दर्जो निर्देशांक 403 जाला.

क्रिकेटांत आयज चवथ्या एक दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय  मॅचींत भारत आनी यजमान न्यूझीलंड हांचे मंदी खेळ जाता. भारतीय मानक वेळा प्रमाण सकाळीं 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जाल्या.

19 वर्सां सकयल्या आशिया कप सर्तीच्या दादल्यांच्या एका दिसाच्या क्रिकेट खेळांत ओमानांत जाल्ले दुसरे सेमी फायनलीच्या खेळांत अफगाणिस्तानाक 8 विकेटींनी हारोवन भारतान फायनलींत प्रवेश केलो.